**<u>येरादारी मंत्र्याहस्तुकीं गोवा ट्रान्सपोर्ट ॲप आनी मोटार वाहन नेमांच्या पुस्तीकेचें विमोचन</u>**

ता. 22 जून 2020

येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी आयज पर्वरी सचिवालयात नॅशनल इन्फॉर्मेटिक सेंटरान (NIC) विकसीत केल्ल्या ‘ Goa Transport’ ह्या एण्ड्रॉयड ॲपाची सुरुवात केली. तशेंच श्री. एन. डी. अगरवाल हांणी गोय मोटार वाहन कायदो 1991 चेर आदारीत संकलीत केल्ल्या पुस्तकाचेय विमोचन केले.

येरादारी संचालक श्री. राजन सातार्डेकर, पुस्तकाचे लेखक श्री. एन. डी. अगरवाल आनी एनआयसी चे अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

वाहन मालकांनी हो ॲप आपल्या स्मार्ट फोनाचेर डावनलोड करुन ताचो वापर रस्तो कर, प्रवासी कर, सेस तशेंच हेर शुल्क फारीक करपाक आनी चेक नाक्यांचेर वापर करचो, अशें येरादारी मंत्र्यान सांगलें.

सध्या हो ॲप डावनलोड करपा करपा खातीर येरादारी खात्याच्या https://www.goatransport.gov.in ह्या वॅबसायटीचेर उपलब्ध आसा आनी फुडल्या सप्तकासावन गुगल प्ले स्टोरान उपलब्ध आसतलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/324

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA